**प्रयोगसांज कार्यक्रमात शेनवारा "लग्नफेरे" नाटकाचो प्रयोग**

ता. 25 मार्च 2021

कला आनी संस्कृती संचालनालयाच्या "प्रयोगसांज" कार्यक्रमात शेनवार ता. 27 मार्च 2021 दिसा सांजेच्या 6.30 वरांचेर बहुउद्देशीय सभाघर, संस्कृती भवन, पाटो पणजी हांगा " **लग्नफेरे** " ह्या नाटकाचो प्रयोग सादर करपात येतलो.

ह्या नाटकाचे लेखक आनी दिग्दर्शक श्री. ज्ञानेश मोघे हे आसात. निर्मीती श्री. सतीश गांवस, सादरीकरण करपी "अपरांत माची", रंगमाची मांडावळ संदीप कळंगुटकर, उजवाडा येवजण विकास चोपडेकर, संगीतसाथ सनी राऊल आनी भेसवण दिपलक्ष्मी मोघे हांची आसा.

सरकारान सांस्कृतिक कार्यावळीं आयोजीत करपा खातीर लागू केल्ल्या एसओपीक आनी मार्गदर्शक तत्वांक पाळो दिवन हो प्रयोग आयोजीक करतले. ह्या प्रयोगाक पयली येवप्यांक पयली हे प्रमाण 50 ते 60 प्रेक्षकांक प्रवेश दिवपात येतलो आनी सामाजिक अंतर राखप, सॅनिटायजेशन, मास्क घालप अशां नेमांक पाळो दिवपात येतलो.

इत्सुक नाट्यसंस्था, दिग्दर्शक आनी कलाकारांनी आपलो नाट्य प्रयोग सादर करपाखातीर कला आनी संस्कृती संचालनालया कडेन संपर्क करचो.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/350

Issued by:
Department of Information and Publicity
Government of Goa